# राज्यांत स्टार्टअप्सांक प्रोत्साहन दिवपाखातीर सरकारची आर्थिक मदत

ता. 7 जुलय 2020

देशांत कोवीड-19 संसर्ग पातळील्लो आसतनाच्या परिस्थितीत गोंय राज्य प्रमाणीत स्टार्टअप्सांक अनुदान आनी हेर सुविधांबाबतीत सरळ आर्थिक पालव आनी आदार दिवपी गोंय हे भारतातले पयले राज्य आसा. हो निधी गोंय स्टार्टअप धोरण 2017 खाला अधिसुचीत केल्ल्या विंगड विंगड येवजणांमार्फत वितरीत केलो. स्टार्टअप्सांखातीर मुळावे भांडवल येवजण ( सीड कॅपीटल ), पगार परतफेड येवजण, स्टार्टअप्सान काम सुरू करपा खातीर फारीक केल्ले भाडे/खर्च परतफेड येवजण, भाड्याच्या/खाजगी कार्यालय जागेचो खर्च, अशों 14 विंगड विंगड येवजणों आसात.

गोंय स्टार्टअप धोरण आदले मुख्यमंत्री सर्गेस्त मनोहर पर्रीकर हांणी चालीक लायिल्ले. गोंयच्या सुशिक्षित तरणाट्यांमदी नवीन कुशळताय आनी उद्देजकताय वाडोवपाच्या उद्देशान हे धोरण तयार केल्ले. उद्देजकांक आनी स्टार्टअप्सांक आदार दिवन गोंयांक नव्या आर्थिक उदरगतीच्या मार्गार व्हरप आनी थळाव्यां तरणाट्यांखातीर रोजगारांच्यो संदी निर्माण करप हो ह्या धोरणाचो हेत आसा. ह्याच उद्देशान आनी हेतान मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या गोंय सरकारान सध्याच्या महामारीच्या काळात 13 स्टार्टअप्सांक एकूण 41,68,631.00 रूपयांची आर्थिक मदत दिल्या.

सरकाराकडेन नोंदणी जाल्ल्यां 88 स्टार्टअप्सांमदल्यां सुमार 50 परस चड स्टार्टअप्सांनी गोंय सरकाराकडल्यान आर्थिक आनी बिनआर्थिक मदत घेतल्या. स्टार्टअप्सांनी वेगवेगळ्यां सुविधांखातीर म्हायती तंत्रज्ञान खात्याकडेन गोंय राज्य स्टार्टअप पोर्टलावयल्यान केल्ल्या अर्जांची तपासणी करून मंजूरेखातीर उच्चाधिकार समितीमुखार दवरले. फकत सीड कॅपीटल येवजणे बाबतीत अर्जदारांक तज्ञांच्या पंगडामुखार सादरीकरण करपाक आपयले, जातूंत उद्देगांतले स्टार्टअप इकोसिस्टम इनेब्लर्स, एकेदेमीया, इन्क्युबेटर्स आनी गुंतवणूकदारांचो आसपाव आशिल्लो. तज्ञांच्या पंगडान मंजूरी दिवन निवड केल्ल्या स्टार्टअप्सांचेय अर्ज उच्चाधिकार समितीमुखार दवरले. उच्चाधिकार समितीत मुख्यमंत्री, म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री, मुख्यसचीव, म्हायती तंत्रज्ञान सचीव, उद्देग सचीव आनी उद्देगांतल्या 4 नियुक्त प्रतिनिधींचो आसपाव आसा. उच्चाधिकार समितीच्या मंजूरे उपरांत अर्जदारांक विंगड विंगड सुविधां दिवपात येता.

गोंय स्टार्टअप धोरण 2017 खाला सरकारान आतामेरेन 21 स्टार्टअप्सांक मेळून 92,98,717.00 रूपयांची आर्थिक मदत दिल्या आनी हातूंतले 77,92,135

रूपयां 19 स्टार्टअप्सांक फाटल्या 9 म्हयन्यांत वितरीत केल्यात. हो निधी स्टार्टअप धोरण 2017 खाला अधिसुचीत केल्ल्या वेगवेगळ्यां आर्थिक सुविधां आनी येवजणां प्रमाण वितरीत केला. आयच्या संकश्टाच्या काळांत स्टार्टअप्सांक उर्बा दिवपाची गरज आसा हे सरकारान लक्षात घेवन योग्य निर्णय घेतिल्लो आसा. तशेंच स्टार्टअप्सांक राज्यांत प्रोत्साहन दिवपाचो आनीक एक प्रयत्न म्हुण सरकारान हालीच जनरल फायनान्सियल नेम (जीएफआर-2017) स्विकारला. जीएफआर-2017 आपणायिल्ल्यान स्टार्टअप्सांक सोयिस्कर जाला. तशेंच सरकारान तांची उत्पादनां आनी सेवांखातीर पोर्टल सुरू केला. अशों वेगवेगळ्यों सुविधां दिल्ल्यान गोंयांत कोवीड -19 महामारी उपरांत स्टार्टअप उद्देगाच्या मळार नक्कीच वाड जातली अशी सरकाराक आस्त आसा.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2020/367

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA